Panaji National 24th November 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी जोहान्सबर्गांत जाल्ल्या दोन दिसांच्या जी-20 फुडाऱ्यांच्या शिखर सभेंत वांटो घेतल्या उपरांत आयज सकाळीं नवी दिल्लीत परतले.

- न्यायमूर्ती सूर्य कांत आज भारताचे 53वे सरन्यायाधीश म्हणून सोपूत घेतले.

- जम्मू-काश्मीरांतल्या चुनखडीच्या खनिज ब्लॉकांचे पयलो लिलाव आज जम्मूंत औपचारीकपणान सुरू जातलो.

- भारतीय नौदल आज मुंबईत माहे ह्या उथळ उदकांत संचार करूक शकपी पाणबुडीविरोधी युद्धनौकाचे जलावतरण करतली.

- दक्षिण आफ्रिके आड जावपा आशिल्ल्या तीन एका दिसाच्या खेळा माळेखातीर के.एल. राहुल भारतीय पंगडाचे फुडारपण करतलो

PM – 140
दक्षिण आफ्रिकेंतल्या जोहान्सबर्ग शारांत काल सांजवेळार जी-20 फुडाऱ्यांची शिखर परिशद सोंपली. "एकचार, समानता आनी स्थिरता" ह्या विशयाचेर दोन दिसांची शिखर सभा जाली. अंदूं पयलेच खेपे शिखर परिशद आफ्रिका खंडांत जाली.
शिखर सभेच्या तिसऱ्या सत्रात उलोवप करतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें, तंत्रगिन्यान अर्थीक केंद्रीत न्हय तर मनीस केंद्रीत, राष्ट्रीय न्हय तर जागतीक आनी विशिष्ट मॉडेला परस ओपन-सोर्सचेर आदारीत आसूंक जाय. प्रधानमंत्री मोदी हांणी सतत विकास, विश्वसनीय वेपार, निष्पक्ष वित्त आनी सगळ्यां खातीर समृध्दी सुनिश्चीत करपी प्रगती हांचेर भर दिलो. प्रधानमंत्री मोदी हांणी फेब्रुवारी 2026 त भारत सर्वजन हिताय, सर्वजन सुखाय -सगल्यांचे कल्याण आनी आनंद ह्या विशयाचेर एआय □म्पॅक्ट समिटची येजमानकी करतलो अशें जाहीर केलें आनी सगळ्या जी-20 राश्ट्रांक वांटो घेवपाखातीर आमंत्रित केले. शिखर सभेच्या फाटभुयेर तांणी जायत्यो द्विपक्षीय आनी त्रिपक्षीय बसका घेतल्यो.
जोहान्सबर्गांत जाल्ल्या दोन दिसांच्या जी-20 फुडाऱ्यांच्या शिखर सभेंत वांटो घेतल्या उपरांत प्रधानमंत्री मोदी आयज सकाळीं नवी दिल्लीत परतले.

PM Italy – 80

जोहान्सबर्गांत जाल्ल्या जी-20 शिखर सभेच्या फाटभुयेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी □टालिच्यो प्रधानमंत्री जियोर्जिया मेलोनी हांची जोहान्सबर्गांत भेट घेतली. वेपार, गुंतवणूक, संरक्षण, नवनिर्माण, एआय, अवकाश आनी शिक्षण हांचे मदले संबंद आनीक खोल करपाचेर तांणी फलदायी चर्चा केली. तशेंच दोनूय फुडाऱ्यांनी आतंकवादाच्या वित्तपुरवठ्या आड सहकार्य वाडोवपा खातीर संयुक्त उपक्रमाचें अनावरण केलें, जाका लागून जागतीक सुरक्षे खातीर सामायिक वचनबद्धताय बळकट जाली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, भारत-□टली धोरणात्मक भागीदारी आनीक आनीक घ□मू□ जायत आसा, ताचो दोनूय राश्ट्रांच्या लोकांक व्हड फायदो जाता.

PM Canada – 90

जोहान्सबर्गांत जावपी जी-20 शिखर सभेच्या वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कॅनडाचो प्रधानमंत्री मार्क कार्नी हांचे कडेन बसका घेतली. येत्या काय म्हयन्यांत व्यापार, गुंतवणूक, तंत्रज्ञान आणि नवोन्मेष, ऊर्जा आणि शिक्षण या क्षेत्रात द्विपक्षीय संबंध आनीक घतमुट करपाचे दोनूय फुडाऱ्यांनी मान्य केलें. संरक्षण आनी अंतरिक्ष क्षेत्रांत सहकार्याचो विस्तार करपाचे शक्यतायेचेरूय एकमत जाला अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. कॅनडान आयोजीत केल्ल्या जी-7 शिखर सभेंत जाल्ले निमाणे बसके उपरांत भारत-कॅनडा संबंदांत म्हत्वाची प्रगती जाल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें. तशेंच दोनूय देशां मदीं वेपार आनी गुंतवणूक घटमूट करपाची व्हड संभावना आसा अशें तांणी नदरेक हाडलें.

CJI – 30

न्यायमूर्ती सूर्य कांत आज भारताचे सरन्यायाधीश म्हणून सोपूत घेतले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू तांकां राष्ट्रपती भवनांत पदाचो सोपूत दितल्यो. न्यायमूर्ती सूर्य कांत भारताचे 53वे सरन्यायाधीश आसतले. ते काल सेवानिवृत्त जाल्ल्या न्यायमूर्ती भूषण आर. गवई हांची सुवात घेतले.

Amit Shah – 100

सरकार देशात ड्रग्ज तस्करी करपी टोळ्यांक अभूतपूर्व वेगान उध्वस्त करता अशे गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हळें. Operation Crystal Fortress खाला नार्कोटिक्स कंट्रोल ब्युरो आनी पुलीस पंगडांनी हालींच नवी दिल्लींत 262 कोटी रुपया मोलाचें 328 किलो मेथांफेटामा□न जप्त करून दोन व्यक्तींक अटक केल्या अशें तांणी सांगलें. दिल्लींत आतां मेरेन जप्त जाल्ली मेथांफेटामा□नाची ही सगळ्यांत व्हडली खेप.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे ड्रग्स मुक्त भारताचें सपन साकार करपा खातीर संबंदीत खातें एक□ांय येवन वावुरतात हें ही कारवाय सिद्ध करता अशें गृहमंत्र्यानि सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. हे कारवाये खातीर नार्कोटिक्स कंट्रोल ब्युरो आनी दिल्ली पुलिसांच्या संयुक्त पंगडाक तांणी परबीं दिली.

SIR – 70

वेंचणूक आयोगान काल सांगले की खासा व्यापक पुनरावलोकन (SIR)चो दुसरो पांवडो सुरूजाल्या सावन ५० कोटी ४७ लाखांपेक्षा चड गणना फॉर्म मतदारांक वाटल्यात. या टप्प्यात आसपावीत आशिल्ल्या सुमार ५१ कोटी मतदारांपैकी ९९ टक्क्यां व्तमतदारांपर्यंत हे फॉर्म पावला.

SIR चो दुसरो टप्पा ह्या महिन्याच्या ४ तारखे सावन णव राज्यांनी आनी तीन केंद्रशासित प्रदेशां नि सुरू जालो. मतदाता यादीचे हे मोठ्या प्रमाणा पुनरावलोकन फुडल्या वर्सा ७ फेब्रुवारीक अंतिम मतदार यादी प्रकाशित जाल्या उपरांत सोपंतली.

Navy – 95

भारतीय नौदल आज मुंबईत नौदलाच्या गोदीत माहे श्रेणीतले माहे ही उथळ उदकांत संचार करूक शकपी पाणबुडीविरोधी युद्धनौकाचे जलावतरण करतली. पश्चिम नौदल कमांडचे फ्लॅग ऑफिस कमांडिंग - □न- चीफ व्हाईस ॲडमिरल स्वामीनाथन हांच्या प्रमुख उपस्थितीत हो सुवाळो जातलो. ह्या सुवाळ्याची अध्यक्षता लष्करप्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी करतले.

माहेचो नौदलाच्या ताफ्यात आस्पाव हे उथळ उदकांत संचार करू शकपी स्वदेशी बनावटीच्या युद्धनौकांच्या नव्या आवृत्तीच्या आगमनाचे प्रतीक □रतले. माहे हे जहाजाचे निर्माण ८० टक्क्यां मायज स्वदेशी साहित्यान केला. हे युद्धनौकेची रचना, बांधकाम आणि एकीकरणत देशाच्या वाढत्या कौशल्याचे प्रदर्शन करता. देशाच्या पश्चिम सागरकिनाऱ्याचेर ती ‘सायलेंट हंटर’ म्हणून काम करतली.

Jammu – 40

जम्मू-काश्मीरांतल्या चुनखडीच्या खनिज ब्लॉकांचे पयलो लिलाव आज जम्मूंत औपचारीकपणान सुरू जातलो. कोळसो मंत्री जी किशन रेड्डी ह्या लिलावाचे अध्यक्षपद सांबाळटले. केंद्र आनी राज्य सरकारां मदली घटमू□ भागीदारी आनी ह्या वा□ारा खातीर ह्या उपक्रमाचें धोरणात्मक म्हत्व हातूंतल्यान दिसून येता अशें खण मंत्रालयान सांगलें.

JK – 20

जम्मू-काश्मीर प्रशासनान एक परिपत्रक जारी करून संविधान दीस मनोवपाचो आदेश दिला. भारताचें संविधान आपणायल्याच्या स्मरणार्थ दर वर्सा 26 नोव्हेंबराक संविधान दीस मनयतात.

IFFI – 150

काल पणजे कला मंदिररात जाल्ल्या  पयल्या मास्टरक्लासांत नामनेचो अभिनेतो अनुपम खेर हाणें शेंकड्यांनी  प्रेक्षकांक मंत्रमुग्ध करपी सादरीकरणात पुरायपणान वेधून घेतले आनी 'गिविंग अप ोज नॉट अ चॉयस' ह्या विशयाचेर आधारित सत्रात आपल्या खास विनोदबुद्धी आनी जीवनदृष्टीन उपस्थितांची मना जिंकली. अनुपम खेर हाणें सत्राची सुरुवात 'सारांश' चित्रपटातली आपली मुखेल भुमिका हातांतल्यान वचून चित्रीकरणाच्या काय दिसां आदि परत मेळिल्ल्याची कथा सांगून केली. स म्हयन्यां परस चड काळ ह्या भुमिके खातीर मना सावन काम केले उपरांत अकस्मात न्हयकारिल्ल्यान ताका सामको धक्को बसलो. निरशेवण मुंबय शाराक सदां खातीर निरोप दिवपाचो निर्णय घेतकीर तो निमाणे खेपे फिल्माचो दिग्दर्शक महेश भट्ट हांकां मेळपाक गेलो. अनुपम खेराची तीव्र प्रतिक्रिया पळोवन भट्ट हांणी आपलें मत बदलून परतून खेराक मुखेल भुमिका दिली. हो खीण खेराच्या कारकिर्दींतलो एक निर्णायक टप्पो थरलो. ह्या अणभवाचेर विचार करतना खेर हांणी सांगलें, सारांश ह्या सिनेमान ताका हार न मानपाचो धडो शिकयलो. अनुपम खेर हांणी पुराय सत्रांत आपल्याच जिणेंतली जायतीं उदाहरणां दिलीं.

IMD – 50

हवामान खात्यान आज मेरेन पश्चिम उत्तर प्रदेशाच्या उत्तरेकडल्या भागात दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला. तशेंच तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे आनी अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर काय सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडटलो असोय अदमास आयएमडीन केला. तशेंच आज लक्षद्वीपाच्या कांय वाारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

Women cricket – 60

कोलंबोत, भारतान नेपाळाक सात विकेटींनी हारोवन पयले एस बी आई दृष्टिबाधित महिला क्रिकेट विश्वचषक जिखला.

नेपाळान दिलल्या 115 धावंड्यांच्या लक्ष्याक जाप दितना भारतान 12 ओव्हरीं आनी एक बॉलात तीन बाद 117 धांवड्यो करून वस्तादपन जोडले. के.कुमारीन 42 धांवड्यो करून भारताची नेटान सुरवात केली. पी.सारीनान अपराजित 44 धांवड्यो केल्यो.

भारतीय महिला क्रिकेट पंगड हो नवो संवसारीक खिताब जिखपी पयलो पंगड जालो.

BCCI – 40

भारतीय क्रिकेट नियामक मंडळान दक्षिण आफ्रिके आड जावपा आशिल्ल्या एका दिसाच्या खेळा माळेखातीर पंगड जाहीर केला. दुखापत जाल्ल्यान शुबमन गिल ह्या माळेंत खेळचो ना. ताचे सुवातेर के.एल. राहुलाक पंगडाचो कर्णधार नेमला. पयलो एका दिसाचो खेळ 30 नोव्हेंबर सावन रांचींत, 3 डिसेंबराक रायपूरांत आनी 6 डिसेंबराक विशाखापत्तनमांत जातलो.